आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

Date : 20/06/2025   6.30 PM

राष्ट्रीय  खबरो

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी आयज देहरादूनांत राष्ट्रपती निकेतन आनी राष्ट्रपती तपोवनाचें उक्तावण केलें. तशेच राष्ट्रपती निकेतनांतल्या  जायत्या उदरगत प्रकल्पांचेंय उक्तावण केलें .राष्ट्रपती निकेतन आनी तपोवन 24 तारखे सावन लोकां खातीर उक्ते जातले. राष्ट्रपती  मुर्मू हांणी नॅशनल इन्स्टिट्यूट फॉर एम्पावरमेंट ऑफ द व्हिज्युअल इम्पॅयर्ड हे संस्थेच्या विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन केलें. ह्या वेळार उलायतान ताणी सांगले

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी ओडिशाच्या भुवनेश्वरात पावले . भाजपाच्या फुडारपणा खाला राज्य सरकाराचें एक वर्स पुराय जावपा खातीर भुवनेश्वरांत आयोजीत केल्ल्या खाशेल्या कार्यावळीक ते हाजीर रावतले. तशेच ते ओडिशांत 18हजार 600 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या उदरगतीच्या कामांचे उक्तावण आनी बुन्यादी फातार बसयतले.

ताचे पयली प्रधानमंत्री मोदी हांणी व्हिडियो कॉन्फरन्सिंगांतल्यान बिहारांत 5हजार 900 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण केले आनी काय प्रकल्पांचो बुन्यादी फातर घालो. तातूंत शार उदरगत, सांडपाणी प्रकल्प, पीएम आवास येवजण, रेल्वे आनी वीज मळावेल्या प्रकल्पचो आस्पाव आसा. हेवेळार प्रधानमंत्रानी सांगले

केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव सध्या रशियेंतल्या सेंट पीटर्सबर्ग शारांत चालू आशिल्ल्या आंतरराष्ट्रीय अर्थीक मंचा खातीर रशियेक भेटेर  आसात. ताणी आयज साउदी अरेबियाचे येरादारी मंत्री सालेह अल जस्सर हांचे कडेन द्विपक्षीय उलोवणी केली. तशेंच रेल्वे मंत्री वैष्णव हांणी रशियन रेल्वेचे सीईओ ओलेग बेलोझेरोव वांगडा बसका घेतली. हेवेळार ताणी सांगले

भारत बेगीनूच  संवसारीक नवनिर्माणाचें केंद्र जातलो अशें केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी सांगलां. फुडल्या 15 वर्सांत भारत इनोव्हेशन इकोसिस्टमांत व्हड प्रमाणांत गुंतवणूक करतलो अशे लंडनांत जाल्ल्या फ्युचर फ्रंटियर्स फोरमांत तांणी सांगलें . लंडनांतल्या सायन्स म्युझियम गटाचे संचालक सर इयान ब्लॅचफोर्ड वांगड संवाद सादतना ताणी सांगलें

संयुक्त राश्ट्रां आयज आंतरराश्ट्रीय सहकार्याचें वर्स मनयतात तरी जागतीक कल्याणाची भावना भारतांत हजारांनी वर्सां सावन अस्तित्वांत आसा अशें केंद्रीय कृशी मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी आयज स्पश्ट केलें. आंतरराष्ट्रीय सहकार वर्सा निमतान आयज मुंबयंत आयोजीत केल्ले राष्ट्रीय परिशदेंत ते उलयताले.

फाटल्या वर्सांत भारतात माल येरादारीच्या खर्चाची टक्केवारी उणी

जाल्या, जी आनीक उणी जावन सुमार णव टक्क्यां मेरेन पावतली अशें केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी आकाशवणीक दिल्ले खाशेले मुलाखतींत सांगलें.

संस्कृती मंत्रालय देशातल्या 100 पर्यटन थळांचेर फल्या 11वो आंतरराष्ट्रीय योग दीस मनयतले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयुष मंत्रालयान विशाखापत्तनमांत आयोजीत केल्ल्या मुखेल कार्यावळींत वांटेकार जातले .

एअर इंडियान तंत्रीक आनी देखरेखीच्या कारणांक लागून जायतीं आंतरराश्ट्रीय विमान सेवा स्थगित करपाचो निर्णय घेतला. उड्डाणा पयलीं सुरक्षेची अतिरिक्त जतनाय, तशेंच मध्य उदेंतांत हवाई शिमो बंद जाल्ल्यान बोईंग 787 आनी 777 विमानांतल्या विमानांची संख्या उणी करपाचो निर्णय घेतला अशें एअर इंडियान निवेदनांत म्हणलां.

भारतीय हवामान खात्यान ह्या म्हयन्याचे 25 तारखेमेरेन वायव्य आनी मध्य भारतांतल्या कांय वाठारांनी वादळी पावसा पडपाचो अदमास उक्तायला. नैऋत्य मौसमी पावस वायव्य आनी मध्य भारताच्या कांय वाठारांनी फुडें सरला अशें हवामान खात्याचे वरिश्ठ शास्त्रज्ञ डॉ. आर के जेनामणि हाणी सांगलां.

हॉकी इंडिया मास्टर्स कप सरतित बायलांच्या  पूल ए हॉकी खेळात हिमाचल पंगडान  केरळ पंगडा 4 आड -1 अशे जैत जोडलें.

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या.